Panaji

Regional News

07.02.2026 @ 7.25 am

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी फोंडाच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत "सरकार तुमच्या दारी" कार्यावळ चालिक लायली . ह्यावेळार वीज मंत्री सुदीन ढवलीकर, सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकर, प्रियोळ मतदारसंघांतले आमदार गोविंद गावडे, दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एगना क्लेटस आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें की, देशांतलें भाजपा सरकार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला वेगवेगळयो कल्याणकारी येवजण्यो चालीक लायता, तेच प्रमाण गोंयांतलें भाजपा सरकार एक दूरदृश्टीकोन घेवन वावुरता. फोंडा तालुक्या आनी फोंडा मतदारसंघांतले जायते प्रलंबीत उदरगत प्रकल्प नेटान पुराय करपाचो सरकार यत्न करता अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार उलयतना वीज मंत्री सुधीन ढवलीकार हांणी सांगलें, सरकार तुमच्या दारांत ही एक बरी संकल्पना आसा आनी लोकांची वेगवेगळी प्रलंबीत समस्या आनी लोकांचें काम नेटान पुराय जातलें ह्या

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हानी परीक्षा पे चर्चा' कार्यावालीत देशातल्या विद्यार्थ्यां वांगडा संवाद सादलो . हयावेलार ताणी परिक्षेच्या ताणतणावक कशें तोंड दिवचें हाचेर विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें. नरेंद्र मोदी हांचे कडेन ठाणे सत्तरीच्या विध्यार्थी श्रीजीत गडगिलान आत्मविस्वासान संवाद सादून गेमींगचेर म्हत्वाचो प्रस्न मांडलो. गेमींग हो एक उत्पादक, कुशळटायेचेर आदारिल्लो वेवसाय म्हणून चॅनल करपा विशीं ह्यावेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ताका मार्गदर्शन केले.ह्या छंदातल्यान फुडार घडोव येता. गेमींगांत गती आनी लक्ष केंद्रीत करपाची गरज आसा अशें नोंद करून आनी रचनात्मक पद्दतीन ताचो फाटलाग करतना तो एक कुशळटाय म्हणून वळखपाक जाता अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला. राज्यपाल पूसपति अशोक गणपति राजू हांणी कुजिरा के.बी. हेडगेवर हायस्कुल संकुलात आणि मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी फोणेंच्या सेंट मेरी हायस्कुल विद्यार्थ्यां वांगडा परीक्षा पे चर्चा कार्यावळींत वांटो घेतलो. हो एक प्रेरणादायक आनी अंतर्दृष्टी आशिल्लो संवाद आशिल्लो अशें तांणी म्हणला. हो अर्थपूर्ण कार्यक्रम विद्यार्थ्यांक नव्यान उमेदीन अभ्यास करपाक प्रेरीत करतलो आनी परिक्षा आनी जिणेंतल्या आव्हानांक आशावाद आनी आत्मविस्वासान फुडो दिवपाक तयार करतलो असो विस्वास ताणी उक्तायलो.

सद्याचे युग म्हळयार गिन्यानाचो काळ आनी फुडाराचे निर्णय गिन्यान आनी तंत्रगिन्यानाच्या आदाराचेर घेवपाचे आसात. अशे परिस्थितींत विद्यार्थ्यांनी आपल्या गिन्यानाचो उपयोग समाजाचे आणि देशाचे उदरगती खातीर करचो असो उलो भारताच्या अणुऊर्जा आयोगाचे आदले अध्यक्ष डॉ. अनिल काकोडकर हाणी मारलो. कुंकळ्ळींत एनआयटी गोंयच्या दीक्षांत सुवाळयांत ते उलयताले.

ह्या दीक्षांत सुवाळयांत वट्ट 216 विद्यार्थ्यांक बीटेक, एमटेक आनी पीएचडी पदवी दिली. तातूंतल्या 162 विद्यार्थ्यांक बीटेक पदवी आनी 30 विद्यार्थ्यांक एमटेक पदवी मेळ्ळी. ते भायर 24 संशोधन विद्यार्थ्यांक पीएचडी पदवी दिली.

नॅशनल बुक ट्रस्टावतीन पणजे कांपाल दयानंद बांदोडकर मैदानाचेंर आयोजित गोंय पुस्तक प्रदर्शन महोत्सवाक उपाट प्रतिसाद मेळटा. ह्या महोत्सवाक पुसतक मोग्या सयत, विचारवंत, साहित्यिक, नाट्य, सिनेमा मळावेले मानेस्त, तशेंच शाळा , म्हाविद्यालयाच्या विद्यार्थ्याकिडल्यान उपाट प्रतिसाद मेळटा. जाणुन घेवया ह्या पुस्तक प्रदर्शना विशी गोंयच्या नागरीकांची मता.

गोय पुलिस खेळ करंड फुटबॉल सर्तींत गार्डियन एन्जेल स्पोर्ट्स क्लबान क्लब द साळगावकार पंगडाचेर पेनल्टी शुटआवटात ५ आड ४ अशे जैत जोडले.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान ३५.4 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २२.५ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.